**पर्यटन मंत्र्याहस्तूकीं धनगर समाजातल्या 14 कुटुंबांक नवीन घरा बांदपाखातीर पायाभरणी**

ता.21 मार्च 2018
30 फाल्गुन 1939

पर्यटन मंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी काल धनगरवाडो-कासारवर्णे हांगा धनगर समाजातल्या 14 कुटुंबांक नवीन घरां बांदपाखातीर पायाभरणी केली.

ह्यावेळार उलयताना श्री. आजगावकर हांणी मोपा आंतरराष्ट्रीय विमानतळ प्रकल्पाक लागून पुनर्वसन जाल्या कुटुंबांक, जमीन गेल्ल्या थळाव्यांक आनी पेडणेतल्या लोकांक रोजगाराखातीर पयले प्राधान्य आसतले, अशें सांगले. पुनर्वसन करपाक लागलेल्या कुटुंबांक घरा बांदपाक जमीन दिल्ले खातीर श्री. आजगांवकर हांणी सरकारचे उपकार मानले.

श्री. आजगांवकर हांणी नवीन घरांचे उक्तावण मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांचे हस्तूकीं जावचे खातीर लोकांनी तांची भलायकी सुदारची म्हण प्रार्थना करची, अशेंय सांगले. तशेंच घरांचे बांदकाम बेगीन पूर्ण जावपाखातीर धनगर कुटुंबानी जीएमआर कंपनीच्या अधिका-यांक सहकार्य करपाकय सांगले.

जीएमआर कंपनीचे वेवस्थापक श्री. मिलींद पैदरकर हांणी सरकारान घराखातीर 100 चौ. मी. आनी गोठो बांदपाखातीर 50 चौ. मी. मेळून 800 चौ. मी. जमीन दिल्या. तशेंच कुटुंबांखातीर समाज सभाघर, मसणभूंय, वीज, उदक आनी रस्तोय उपलब्ध करतले अशें सांगले.

नागरी उड्डान मंत्रालयाचे तांत्रिकी अधिकारी श्री. वैभव वजें, सातेरी देवस्थानचे अध्यक्ष श्री. सगुण नाईक, वारखंडेचे सरपंच श्री. मंदार परब, पंच श्री. प्रदीप कांबळी आनी जीएमआर कंपनीचे अधिकारी ह्यावेळार हजर आशिल्ले.